**<u>सोमाराच्यान  खबरदारीचो डोस  वासिनीकरण मोहीम</u>**

ता. 07 जानेवारी 2022

संवसारात हालीच्या दिसानी वाडिल्लो कोरोना दुयेंतींचो आंकडो आनी ओमायक्रोन बादीत प्रकरणां लक्षात घेवन सोमवार ता.10 जानेवारी 2022 सावन सकाळी 9.00 ते सांजेची 4.30 मजगती बांबोळीच्या गोंय वैजकी म्हाविद्यालया सयत भलायकी सेवा संचालनालया खालच्या सगळ्यां सरकारी हॉस्पिटलांनी फुकट **<u>"खबरदारीचो डोस दिवपाची वासिनीकरण मोहीम"</u>** सुरू जातली.

हो डोस हेल्थ केअर वर्कर, फ्रंट लाइन वर्कर्सा सयत वेंचणूक कामाखातार नेमणुक जाल्ले कर्मचारी, कॉमोरबिडीटी आशिल्ल्या 60 वर्सां आनी त्या परस चड पिरायेच्या सगळ्यां व्यक्तिंक पयली दितले. कोवीड वासिनाचे दोनीय डोस घेवन 9 म्हयने पुर्ण जाल्ल्यांक म्हळ्यार कोवीड वासिनाचो दुसरो 10 एप्रिल 2021 दिसा वा त्या पयली घेतिल्ल्याक प्राधान्यक्रमान आनी अनुक्रमान खबरदारीचो डोस दिवपात येतलो.

जांणी Covaxin चे दोन डोस घेतल्या तांकां Covaxin चो डोस दितले आनी जांणी Covishield चे दोन डोस घेतल्या तांकां Covishield चो डोस दितले. तिसऱ्या ल्हाराच्या फाटभुंयेर हो खबरदारीचो डोस दिवपात येतलो.

वासिनीकरणाच्या थळार लाभार्थ्यांची स्पॉट नोंदणी जातली. त्याखातीर सगळ्या लाभार्थ्यांनी नोंदणीखातीर येतना अंतिम वासिनीकरण प्रमाणपत्र वा COVID-19 वासिनीकरण कार्ड (संबंदीत भलायकी केंद्रान जारी केल्ले). फोन नंबर आनी पयलीच्या वासिनीकरणा वेळार सादर केल्ले वळखपत्र वांगडा हाडचे, अशें भलायकी संचालनालयान कळीत केला.

-

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/31

-
-
-
-
-

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji